आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date : 22/07/2025 6.30 PM

70

आपलें जिवीत राष्ट्राक आनी समाजाक समर्पित करप होच जिणेचो सगळ्यांत बरो मार्ग आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज नवी दिल्लीत 52व्या स्काऊट आनी गाइड पुरस्कार भेट्वण सुवाळावेळार सांगले. ह्यावेलर ताणी भारत स्काऊट आनी गाइडांच्या 16 स्काऊट, गाइड, रोव्हर आनी रेंजरांक तांच्या शिस्त, समाजसेवा फुडारपण आनी मोलादीक योगदाना खातीर पुरस्कार आनी प्रमाणपत्रां भेटयलीं. भारत स्काऊट आनी गाइड सारकिल्ल्यो संस्था तरणाट्यां मदीं नैतीक मुल्यां वांगडाच निस्वार्थ सेवा आनी देशभक्तीचे आदर्श रुजयतात अशें ताणी मुखार सांगलें.

60

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हान्चो राजिनामो राष्ट्रपतीनी मान्य केला अशी म्हायती राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश हाणी सभाघरांत दिली. उपराष्ट्रपती पदा सयत तांका देशाची सेवा करपाच्यो जायत्यो संदी मेळ्ळ्यात आनी तांच्या बऱ्या भलायकीखातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सोशल मिडियापोस्टवरवी परबी दिल्यात. भलायकी कारणांक लागून उपराष्ट्रपतीनी काल आपल्या पदाचो राजिनामो दिलो.

20

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां यु केंच्या अधिकृत भेटीचेर वतले. हेभेटी वीशी प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें

65

सर्वोच्च न्यायालयान आयज संविधानान थारायिल्ली वेळ मर्यादा नासली तरी विधेयकांचेर कारवाय करपाखातीर राज्यपाल आनी राष्ट्रपती हांकां वेळ मर्यादा घालपाच्या प्रस्नाचेर केंद्र आनी सगल्या राज्य सरकारांक नोटीस जारी केल्यात. तमिळनाडू विधेयक प्रकरणांत सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ल्या निकाला उपरांत अंदू मे म्हयन्यांत राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी संविधानाच्या कलम 200 आनी 21 खाला राज्यपाल आनी राष्ट्रपती हांचे मुखार विधेयक सादर करतना सर्वोच्च न्यायालयाक आपलीं मतां नोंद करपाक सांगिल्लें.

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटना इसरो  अमेरिकन अंतरिक्ष एजन्सी नासाच्या जोड्पाल्वान  तयार केल्लो निसार पृथ्वी निरिक्षण उपगिरो  ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक श्रीहरिकोटा सावन पर्क्षेपित करतले .

८५

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या दुसर्या दिसा विरोधी पक्ष वांगड्यांनी वेगवेगळ्या विशयांचेर केल्य बोवाळाक लागून संसदेच्या दोनुय सभाघरांचे कामकाज पयली दंनपरा २ मरेन आनी उपरांत दीसभराखातीर स्थगीत केले .सभापती ओम बिर्ला हाणी लोकसभेंत प्रस्न सुरू केल्या उपरांत विरोधी वांगड्यांनी ऑपरेशन सिंदूराचेर चर्चा आनी बिहारांतल्या मतदार यादींचो पुराय नियाळ घेवपाची मागणी करून घोशणा दिवपाक सुरवात केली. केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाणीय सहकार्याचें आवाहन केलें, पूण बोवाळ चालू उर्रील्ल्यान कामकाज दिसभराखातीर  स्थगीत केले.राज्यसभेंतूय विरोधकांनी केल्या बोवाळाक लागून पयलीं दनपारां 2 मेरेन आनी उपरांत दिसभराखातीर कार्यवाही स्थगीत करची पडली.

40

आयज  इंडिया आघाडीच्या फुडाऱ्यांची बसका संसदेत जाली. हे बसकेंत काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे, लोकसभेंतलो विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी  आनी आघाडीचे हेर जायते फुडारी हाजीर आशिल्ले. संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनात एक समान रणनिती तयार करपा विशीं फुडाऱ्यांनी चर्चा केली.

45

भारतीय सैन्या खातीर एक मैलाचो फातर थारपी आपॅची हेलिकॉप्टरांचो पयलो गट आयज अमेरिकेंतल्यान भारतांत पावलो. हे आर्विल्या हेलिकॉप्टरांच्या प्रगत तांकीक लागून तांका हवेतले रणगाडे अशे म्हणटात .ह्या  हेलिकॉप्टरांत प्रगत शस्त्रां, संवेदक आनी सगळ्या हवामानांत कार्यक्षमताय आशिल्ल्यान भारतीय सैन्याची हवाई झुजाची शक्त खूब वाडटली.

35

महाराष्ट्र सरकारान 2006 वर्सा जाल्या रेल्वे स्फोट प्रकरणांतल्या सगल्या 12 आरोपींक निरपराधी थारावपाच्या मुंबय उच्च न्यायालयान घेतिल्ल्या निर्णया आड आयज सर्वोच्च न्यायालयांत अर्ज दाखल केलो. सर्वोच्च न्यायालयान ही केस 24 जुलयाक सुनावणी करपाक मान्यताय दिल्या.

60

प्रसार भारती फुडाराच्य गरजाखातीर खबरां कक्षांत एआय चालीत उपाय प्रायोगिक तत्वार करपाविशी काम करता अशे प्रसार भारतीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी गौरव द्विवेदी हांणी सांगलें . ते  कंबोडियाच्या सिम रीप शारांत जाल्ल्या विसाव्या आशिया मिडिया शिखर सभेंत वेव्स ओटीटी प्लॅटफॉर्माचेर सादरीकरण केलें. वेव्स प्लॅटफॉर्म फकत वापरप्यांकच न्हय तर संस्थांक, समुदायांक आनी धोरण निर्मात्यांकय सामुग्री सोदपाक मदत करता अशे ताणी सांगलें .

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, तेलंगणा आनी उत्तराखंडांतल्या कांय सुवातींनी उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच फुडल्या 2-3 दिसांत ईशान्य राज्यांनी, जम्मू-काश्मीर गुजरात, हिमाचल प्रदेश, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी बिहारात गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला.

भारत आनी इंग्लंड बायलांच्या पंगडां मदीं निमाणो वन डे खेळ आयज इंग्लंडांतल्या चेस्टर-ले-स्ट्रीट मैदानार जातलो . सध्या ही मालिका 1-1 अशी बरोबरीचेर आसा.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर